काशी तमिळ संगमम 5.0 · तिरुक्कुरल पयिल्वोम

# विद्येचेर धा कुरल

அதிகாரம் 40 · கல்வி · Chapter 40 · Learning (Kalvi)

391 கற்க கசடறக் கற்பவை கற்றபின்
நிற்க அதற்குத் தக.
शिकपाक जाय तें पुरायपणान शिकून घेवचें आनी शिकून जाले उपरांत ते प्रमाण जिणेंत त्या शिक्षणाचो उपेग करचो.

392 எண்ணென்ப ஏனை எழுத்தென்ப இவ்விரண்டும்
கண்ணென்ப வாழும் உயிர்க்கு.
संख्या (गणीत) आनी एक अक्षर (कला आनी साहित्य) दोन अशे तरेच्यो कला आसात की त्यो हे जगांत रावपी वा जियेवपी लोकां खातीर दोन दोळे अशे ते म्हणटात.

393 கண்ணுடையர் என்பவர் கற்றோர் முகத்திரண்டு
புண்ணுடையர் கல்லா தவர்.
फकत विद्वानांक दोळे आसतात. अशिक्षीतांच्या तोंडार दोन फोड आसतात!

394 உவப்பத் தலைக்கூடி உள்ளப் பிரிதல்
அனைத்தே புலவர் தொழில்.
हो विद्वानांचो पराक्रम आसा की विद्वान लोक आपसांत जेन्ना मेळटात तेन्ना ते प्रसन्नताय हाडटात आनी प्रस्थान करपा वेळार उगडास सोडून वतात.

395 உடையார்முன் இல்லார்போல் ஏக்கற்றுங் கற்றார்
கடையரே கல்லா தவர்.
गिरेस्तांच्या मुखार दळिद्री कंगाला भशेन जसो उबो रावता तसो एक सभ्य विद्वाना सामकार गरीब जावन उबो रावन शिक्षा प्राप्त करता आनी विनम्र जावंक शिकता; श्रेश्ठ जात आनी नीच लोक केन्नाच शिकपाक पावनात ते सदांच तिरस्करणीय आसतात.

396 தொட்டனைத் தூறும் மணற்கேணி மாந்தர்க்குக்
கற்றனைத் தூறும் அறிவு.
रेंव-झरो जितलो चड खणटले तितलो चड उदकाचो प्रवाह वाडटलो. तशेंच कोणूय जितलें चड शिकतलो तितलीच चड बुद्धी वाडटली आनी गिन्यानाचो ताचो दर्जो वाडटलो.

397 யாதானும் நாடாமால் ஊராமால் என்னொருவன்
சாந்துணையுங் கல்லாத வாறு.
शिक्षण सगळें जग आनी सगळ्यो सुवातो तुमच्यो करता. शिक्षणाक लागून सगळ्यांचेर तुमचें वर्चस्व निर्माण जाता अशें आसतना, कोणूय मरणा मेरेन शिकप कित्याक बंद करतात काय?

398 ஒருமைக்கண் தான்கற்ற கல்வி ஒருவற்கு
எழுமையும் ஏமாப் புடைத்து.
एकाच जल्मांत मेळिल्लें शिक्षण, फुडलें सात जल्म तुमची राखण करता. तुमकां आदार करता.

399 தாமின் புறுவது உலகின் புறக்கண்டு
காமுறுவர் கற்றறிந் தார்.
ताका जें गिन्यान खोशी करता तेंच गिन्यानाक लागून पुराय संवसार खोशी आसा तें पळोवन, विद्वान चड खोशी जाता आनी आनीक चड गिन्यान अर्जीत करपाक लागता.

400 கேடில் விழுச்செல்வம் கல்வி யொருவற்கு
மாடல்ல மற்றை யவை.
संवसारांत सगळ्यां खातीर केन्नाच उणी जायना अशी संपत्ती म्हणल्यार शिक्षण वा गिन्यान. विद्या धन सोडून हेर सगळी संपत्ती क्षुल्लक.


अणकार © केंद्रीय अभिजात तमिळ संस्था, चेन्नई · CC BY 4.0